Aakashvani Panaji Regional bulletin 7.25 am 13th December 2025

Fatorda -sushant 102

फातोड्डे मतदारसंघांतल्या 10 आनी 11 व्या वॉर्डांत 2 कोटी रुपया खर्च करून रस्त्यांचें हॉटमिक्सींग डांबरीकरण करपाचें काम आयज आमदार विजय सरदेसाय आनी नगरसेवक आनी कामगार हांच्या हाजिरेंत सुरू जालें. ह्या वावरांत बीपीएस क्लबा फाटल्यान पाजीफोंड हांगाचो रस्तो, दामोदर साल वाठार, प्रेजेंटेशन कॉन्व्हेंटा मुखार आशिल्लो रस्तो, नानुटेल हॉटेला फाटल्यान आनी हेर रस्ते अशें सात किलोमीटर रस्त्यांच्या कामांचो तातूंत आस्पाव आसा. ह्या वेळार उलयतना आमदार विजय सरदेसाय हांणी फुडले दोन वर्सां हे रस्ते खणचे नात अशें सांगलें. ह्या वाठारांतली गटारां बांदपाचे आनी जमनीपोंदा केबल घालपाचें काम पुराय जालां. ही कामां जावपाची उरिल्ल्यान ह्या रस्त्यांचे हॉटमिक्स डांबरीकरण करपाचे काम अडून उरिल्ले अशें सरदेसाय हांणी सांगलें.

४० dip

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान सकाळी 9.30 वरांचेर मिरामार आशिल्ल्या तांच्या स्मृती स्थळाचेर खाशेली

कार्यावळ जातली. मिरामार आशिल्या तांच्या सामधीचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त पुष्पचक्र अर्पण करून तांका आर्गां ओपतले

रश्मी १००

20 तारखेक जावपी जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत भारतीय जनता पार्टीन भाजपाचे 40 उमेदवार उबे केल्यात,जाल्यार भाजपाकडे युती आशील्ल्या मगो पक्षान 3 उमेदवार उबे केल्यात.हे खेरिज 7 अपक्ष उमेदवारांक भाजप आनी मगो पक्ष तेको दीतले अशी म्हायती भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी आयज पणजे जाल्ल्या त्रकार परीशदेवेळर दीला. हे फावट भाजपान 80% नव्या मुखामळांक जिल्हो पंचायत वेचणुकेत संद दीला,जैत आमचीच जातली अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हणला.**Byte** - Damu naik ३४ सेक

मगो आनी भाजप पक्षाची विचारसरणी जुळटा,हे फावट जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत भाजप आनी मगो पक्षान उबे केल्ले उमदवार जैतीवंत जातले असो विस्वास मगो पक्षाचे अध्यक्ष दीपक ढवळीकार हांणी ह्यावेळार उलयतना व्यक्त केला.**Byte** - Deepak dhavlikar १८ सेक

जाण ९५

कोंकण मराठी परिशद, गोंय ह्या संस्थेचें २१ वें शेकोटी साहित्य सम्मेलन फाल्या आनी परां म्हळ्यार शेनवार १३ आनी आयतार १४ डिसेंबराक म्हापशां जातलें. पयल्या दिसाची कार्यावळ श्री बोडगेश्वर संस्थानाच्या आवारांत जातली, जाल्यार दुसऱ्या दिसाची कार्यावळ श्री लक्ष्मीनारायण संस्थानाच्या सभाघरांत जातली. ह्या संमेलनाक उद्‌घाटक कविता बोरकार, मुखेल सोयरो प्रा. विनय मडगांवकार हाजीर रावतले अशें आयोजकांनी कळीत केलां. ह्या साहित्य संमेलनांत वेगवेगळ्यो लाहित्यीक कार्यावळी, रांगोळी प्रदर्शन, पुस्तक प्रदर्शन, साहित्य महोत्सव, , संगीत कार्यावळ, वेगवेगळी कला प्रदर्शनां, आमंत्रित कवी परिशद, चाफा कवी परिशद, बौध्दिक सत्रां, साहित्य परिसंवाद, स्वता बरयल्ल्या साहित्याचें वाचन, उक्ते परिसंवाद आनी हेर कार्यावळी जातल्यो

राजेश 60

गोवा साने गुरुजी कथामाला आनी सरकारचे कलां आनी संस्कृति खाते हांच्या जोडपालवान 14 तारखेक 38 वो अखिल गोवा शिक्षक पालक कथाकथन मेळावो दिवचल हांगसर जातलो. दनपारा अडीच वरांचे दिवचलच्या बाबा सावयकर सेवा ट्रस्ट सभाघर सोनार पेठ दिवचल हांगसर हो

मेळावो जातलो. या मेळाव्यात चढानचढ शिक्षकांनी आनी पालिकानी वाटेकार जावचे अशें आवाहन प्रदेश साने गुरुजी कथामालेचे अध्यक्ष अशोक तीळवी हाणीं केला.

हवामान 1५

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज  पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे  तापमान १७.5  औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports – 30

दिवचल म्हालांतल्या कारापुर तीस्कवेल्या डॉक्टर केबी हेडगेवार विद्यामंदिरच्या दोन विद्यार्थ्यांची राष्ट्रीय दोरी उडी सर्तीखातीर गोंयच्या पंगडात निवड जाल्या. महाराष्ट्रतल्या अलिबागात  जावपी राष्ट्रीय दोरी उडी सर्तीखातीर शौनक बाराजाणकर आनी रौनक घाडी या विद्यार्थ्यांचो आस्पाव आसा.